१०.०७.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

रॉटविलर, पिटबूल अश्या हिंसक सुण्यांचेर बंदी घालपाक येत्या पावसाळी अधिवेशनांत सरकार खास विधेयक मांडटलें. मंत्रिमंडळान गोवा पशू प्रजनन आनी घरगुती नियमन आनी लुकसाण भरपाय विधेयकाक मान्यताय दिल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अध्यक्षते खाला आयज मंत्रालयांत मंत्रिमंडळाची बसका जाली. उपरांत मुखेलमंत्री सावंत हांणी ह्या निर्णयांची म्हायती पत्रकार परिशदेंत दिली. वेवसाय सुलभीकरणाच्या हेतान कारखानो आनी बाष्पक दुरूस्ती विधेयकूय सादर जातलें. गोवा वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटल आनी गोंय दांत महाविद्यालयांत दोतोर आनी नर्सींचीं पदां कंत्राटी पद्धतीचेर भरपाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. कार्डिओलॉजीस्ट सयत तज्ञ दोतोर आनी नर्सी मेळून गोंय वैजकी महाविद्यालयांत १७० पदां कंत्राटाचेर भरतले जाल्यार दांत महाविद्यालयांत प्राध्यापकांचीं १० पदां कंत्राटाचेर भरतले. अभियोक्ता संचालनालयांत १३ पदां तयार करपाक मान्यताय दिली. राष्ट्रीय सेवा येवजणे खातीर (एनएसएस) स्वतंत्र विभाग स्थापन करतले. राज्य पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यांत वैज्ञानीक अधिकाऱ्यांचीं पदां भरतले.

आयआरसीटी म्हळ्यारच इंडियन रेल्वे कॅटरिंग अँड टुरिझम कॉर्पोरेशन वतीन अंदू वर्सा अष्ट ज्योतिर्लिंग श्रावण स्पेशल यात्रेचे आयाजन केला भारत गौरव स्पेशल टुरिस्ट रेल गाडयेन ही यात्रा जातली. आयज मडगांवां घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत आयआरसीटीचे जनसंपर्क अधिकारी ए. के. सिंग हांणी ही म्हायती दिली. ह्यावेळार कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हेय ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले. ही यात्रा १२ राती आणि १३ दीस जातली तातूंत द्वारकेचे द्वारकाधिश आणि नागेश्वर ज्योतिर्लिंग, वेरावळचे सोमनाथ , उज्जैनचे महाकालेश्वर आनी ओमकारेश्वर ज्योतिर्लिंग मंदीर, नाशिकचे त्र्यंबकेश्वर , औरंगाबादचे घृणेश्वर , परभणीचे परळी वैज्यनाथ ज्योतिर्लिंग आनी मार्कापूरचे श्री शैलम मल्लिकार्जुन ज्योतिर्लिंग मंदिराचो आस्पाव आसा . ५ ऑगस्ट सावन ही यात्रा सुरु जातली. मडगाव, थिवी, सावंतवाडी, कुडाळ, वैभववाडी, राजापूर राेड, रत्नागिरी, चिपळूण, रोहा, पेण आनी पनवेल हांगासावन भाविकांक ह्या रेल गाडयेत बसपाक मेळटले. ह्या यात्रेक स्लिपर इकॉनॉमी डब्यातल्यान प्रवास करप्यांक २३८८० रुपये, ३ एसी स्टँडर्ड डब्यातल्यान प्रवास करप्यांक ४१ हजार ६० रुपये जाल्यार २ एसी कम्फर्ट डब्यांतल्यान प्रवास करप्यांक ५४६६० रुपये भाडे आकारतले. अशें सिंग हांणी सांगलें.

कोंकणी मळार मोलादीक वावर केल्ल्याक दिवपी अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेचो माधव मंजुनाथ शानभाग यादस्तीक जीवन गौरव पुरस्कार अंदू वर्सा सर्गेस्त रॉकी मिरांड हांकां जाहीर केला. 13 जुलयाक पुण्यांत जावपी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या स्थापणूक दिसा तांच्या कुटुंबाक हो पुरस्कार भेटयतले अशें अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेत उजवाडाक दिल्ल्या खबरेत म्हळा.

भारत सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो (पीआयबी) चें प्रादेशिक कार्यालय पणजेंत कंत्राटी तत्वाचेर तरणाटे वेवसायीक भरती करता. इंग्लीश आनी हिंदी वांगडाच कोंकणी भाशेंक प्रवीणताय आसप गरजेचें. वेगवेगळ्या सरकारी येवजण्यां संबंदीत प्रसार माध्यमांचो प्रसार, प्रादेशिक भाशांनी प्रेस नोंदी आनी संशोधन पत्रांचो मसुदो तयार करप आनी अणकारप, सोशल मिडियाचेर म्हायती प्रसार करप, माध्यमांच्या कव्हरेजाचें विश्लेशण करप, अहवाल आनी दृश्य अहवाल तयार करप हांचो आस्पाव जाता. उमेदवारांक मास कम्युनिकेशन पदवी वा मास कम्युनिकेशन डिप्लोमा वा प्रमाणपत्र आसपा गरजेचें. पिराय 25 ते 35 वर्सां मदीं आसूंक जाय, आनी प्रसार माध्यमां संबंदीत दोना परस चड वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. मायक्रोसॉफ्ट एक्सेल आनी गूगल शीट ह्या सारकी डेटामॅनेजमेंट साधनांचो वापर करपाक कळपाक जाय.

उद्देगीक कामगारांच्या कल्याणा खातीर चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळ्या कल्याणकारी येवजण्यांचो लाव घेवपा खातीर गोंय कामगार कल्याण मंडळान उद्देगीक कामगारांक अर्ज मागयल्यात. गोंय कामगार कल्याण मंडळ उद्देगीक कामगार/कर्मचाऱ्यांच्या आनी पयली ते चवथी वर्गांत शिकपी भुरग्यांक शाळेंत वचपी भुरग्यांक गणवेशाचो संच दिवपा खातीर पाठ्यपुस्तकां/नोटबुक खरेदी करपा खातीर अर्थीक मजत दिवप अशो वेगवेगळी येवजण चालीक लायता.

राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक **40** ते **50**किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग **60** किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दर्‍यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला